**गोंय विद्यापीठान सिनियर रिसर्च असोसिएट- टॅक्निकल पदाखातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 7 जुलय 2025

गोंय विद्यापीठान इलेक्ट्रॉनिक्स आनी इन्फॉर्मेशन टॅक्नोलॉजी मंत्रालय, नवी दिल्ली पुरस्कृत "VIDYAAPATI: Bidirectional Machine Translation Involving Bengali, Konkani, Maithili, Marathi and Hindi under the project titled "National Language Translation Mission: BHASHINI" ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एका सिनियर रिसर्च असोसिएट- टॅक्निकल पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. संगणक विज्ञान आनी टॅक्नोलॉजी विभाग, गोवा बिजनेस स्कुल, गोंय विद्यापीठ कामाची सुवात आसा.

उमेदवारा कडेन एम. ई. (संगणक विज्ञान आनी टॅक्नोलॉजी)/एम.टॅक. (संगणक विज्ञान)/ एमसीए/एम. एससी. (आर्टिफिसियल इंटेलिजन्स/डाट सायन्स/संगणक विज्ञान/म्हायती तंत्रज्ञान) वा बी. ई./बीसीए/बी. एससी. (संगणक विज्ञान/डाटा सायन्स/इलेक्ट्रॉनिक्स/आयटी/संगणक अभियांत्रिकी) पात्रताय आसपाक जाय. उमेदवाराकडेन कमीत कमी तीन वर्सां कामाचो अणभव आसपाक जाय. तशेंच खास करून Python आनी Java programming कुशळटाय, एमएस ऑफिस, एआय-एमएल, स्टॅटिस्टिक, डाटा सायन्स आनी कोंकणी भाशेचे गिन्यान आसपाक जाय. हिंदी भाशेचेय गिन्यान आवश्यक आसा. म्हयन्याक 60,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले. प्रकल्पाचो कार्यकाळ णव म्हयने वा प्रकल्प पुराय जाय मेरेन, जे पयली आसा ते.

मुलाखत 14 जुलय 2025 दिसा सकाळी 10..00 वरांचेर संगणक विज्ञान आनी टॅक्नोलॉजी विभाग, गोवा बिजनेस स्कुल, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी प्रकल्प संशोधक, विद्यापीठ प्रकल्प, गोंय विद्यापीठ हांका अर्ज करचो. आपलो सीव्ही, दाखलें, कामाचो अणभव आनी हेर दाखले vidyaapati@unigoa.ac.in चेर ऑनलायन धाडचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/580

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.